17th August 2025 सकाळी - 8.40

नमस्कार, आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं, मनाली प्रभुगावकर तुमका ह्यो राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत, सुमार 11 हजार कोटी रुपयांच्या, दोन व्हड राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

- आयज नवी दिल्लींतल्या मुख्यालयांत, भाजपा संसदीय मंडळाची जातली बसका. उपराष्ट्रपती पदाच्या वेंचणुकेखातीर, उमेदवाराविशी चर्चा जावपाची शक्यताय.

- भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुभंशु शुक्ला, आयज सकाळी नवी दिल्लीत पावले. दिल्ली विमानतळार, तांचो भव्य येवकार.

- भारताच्या इलॅक्ट्रॉनिक्स निर्यातींत, चालू वित्तीय वर्साच्या पयल्या तिमाहींत, फाटल्या वित्तीय वर्साच्या ह्याच काळांपरस, 47 टक्क्यांनी वाड जाल्या.

- सायपन आंतरराष्ट्रीय बॅडमिंटन सर्तींत, भारताची तान्या हेमंत हिणें, बायलांच्या एकोडे गटांत जैत जोडलें.

आता पुराय खबरो

पीएम -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत, सुमार 11 हजार कोटी रुपयांच्या दोन व्हड राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. ह्या प्रकल्पांत द्वारका एक्सप्रेसवेचो दिल्ली विभाग आनी अर्बन एक्सटेंशन रस्तो-II, हांचो आस्पाव जाता. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्री मोदी हांणी, राष्ट्रीय राजधानी वाठारातल्या, मुळाव्या साधनसुविधा उदरगतीक म्हत्वाचो उर्बा दिवन, नागरिकांच्या 'जीणेची, बरी सोय' करपाविशी, सरकार वचनबद्ध आसा, अशे परतून म्हळां. प्रधानमंत्री कार्यालयाच्या निवेदनांत म्हणलां की, राष्ट्रीय राजधानींत गर्दी उणी करपाच्या सरकाराच्या व्यापक येवजणेचो एक भाग म्हूण, हे प्रकल्प तयार केल्यात. जोडणी सुदारप, प्रवास वेळ उणो करप, दिल्ली आनी भोंवतणच्या वाठारांनी येरादारी सोंपें करप, हा ह्या प्रकल्पांचो हेत आसा. ह्या निमतान, प्रधानमंत्री मोदी सभेक संबोधीत करतले.

भाजप बसका -

आयज नवी दिल्लींतल्या पक्षाच्या मुखेल कार्यालयांत, भाजपा संसदीय मंडळाची बसका जावपाची शक्यताय आसा. हे बसकेक

पक्षाचे सगळे संसदीय मंडळ वांगडी, हाजीर आसतले. पक्षाच्या सूत्रांनी सांगलें, कि उपराष्ट्रपती पदाच्या वेंचणुकेच्या, उमेदवाराचेर चर्चा जावपाची शक्यताय आसा. ह्या म्हयन्याच्या 6 तारखेक, सत्ताधारी नॅशनल डेमोक्रेटिक आलायन्साच्या फुडाऱ्यांनी, एकमतान थाराव संमत करून, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी भाजपा अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हांकां, उपराष्ट्रपती वेंचणुके खातीर, NDAचो उमेदवार थारावपाचो अधिकार दिल्लो.

Astronaut –
भारतीय अंतरिक्ष यात्री ग्रुप कॅप्टन शुभंशु शुक्ल आयज सकाळी नवी दिल्लीत पावले. केंद्रीय मंत्री जितेंद्र सिंग, दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता आनी भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटनेचे अध्यक्ष डॉ व्ही नारायणन हांणी तांकां विमानतळार येवकार दिलो. ताका येवकार दिवपाक ताची घरकान्न आनी पूतय हाजीर आशिललि. शुक्ला 15 जुलयाक आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्रांतल्यान परतले.आंतरराश्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्राक भेट दिवपी तो पयलो भारतीय. शुभंशु हाणें नासाच्या 'ॲक्सियम-4' मिशनाचें फुडारपण केलें. फ्लोरिडाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांतल्यान 25 जून दिसा ताचे प्रक्षेपण जाले. ह्या मिशनाच्या काळांत शुभंशु हाणें अंतरिक्षांत अपूर्व सूक्ष्म गुरुत्वाकर्शणाचे प्रयोग केले. भारताचे पयले अंतरिक्षयान मिशन गगन्यान खातीर वेंचून काडिल्ल्या अंतरिक्षयात्र्यां मदलो शुभंशु

हो एक. फुडल्या वर्साच्या अखेर मेरेन ते सुरू जावपाची शक्यताय आसा.

Goyal –

चालू वित्तीय वर्साच्या पयल्या तिमाहींत भारताच्या इलॅक्ट्रॉनिक्स निर्यातींत फाटल्या वित्तीय वर्साच्या ह्याच काळां पेक्षा 47 टक्क्यां परस चड वाड जाल्या. मेक इन इंडियाच्या यशाक लागून फाटल्या दशकांत इलॅक्ट्रॉनिक्स उत्पादन 31 अब्ज डॉलरां वेल्यान 133 अब्ज डॉलर मेरेन वाडलां अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. भारताक उत्पादन क्षेत्रांत आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकारान जायते यत्न केल्यात अशें गोयल हांणी सांगलें. ताका लागून भारतांत मोबायल उत्पादन युनिटांचो आंकडो 300 परस चड जाला, जाल्यार 2014 वर्सा तांचो आंकडो फकत दोन आशिल्लो. भारत आतां मोबायल आयात करपी न्हय तर संवसारांतलो दुसरो व्हडलो मोबायल फोन निर्मातो आसा अशें तांणी सांगलें. इलॅक्ट्रॉनिक्स क्षेत्रांत रोजगाराच्यो खूब संदी निर्माण जाल्यात अशें गोयल हांणी सांगलें.

इसी पोल्स -

कायदो, नेम आनी मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण, चडांत चड पारदर्शकताय, हे वेंचणूक वळेरी तयार करपाचे खाशेलपण आसा, अशें भारतीय वेंचणूक आयोगान सांगलां. वेंचणूक नोंदी तयार करपाच्या दर एका पांवड्यार, राजकी पक्षांचो आस्पाव आशिल्लो, अशें मतदान मंडळान एका निवेदनांत म्हणलां. फाटल्या वेंचणुकेंतल्यान, वेंचणूक नोंदींत चुकां विशीं हुस्को उक्तायिल्ल्यान, राजकी पक्ष आनी व्यक्तींचेर आयोगानं टिका केल्या. वेंचणूक वळेरेविशी, खंयचोय प्रस्न मांडपाक योग्य वेळ, त्याच्या दावे आनी हरकती काळांत आसा. होच सगळ्या राजकी पक्षांक आनी उमेदवारांक वेंचणूक नोंदी वांटपा फाटलो, उद्देश आसा, अशें मतदान मंडळान सांगलें.

जयशंकर कोरिया -

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी काल नवी दिल्लींत, दक्षिण कोरियाचे तांचे समकक्ष चो ह्यून हांचे कडेन, द्विपक्षीय बसका घेतली. वेपार, उत्पादन, दर्यावेळो, ह्या सारक्या वाठारांनी द्विपक्षीय सहकार्याक फुडें व्हरपाचो हेत आशिल्ल्या, उत्पादक चर्चांनी दोनूय फुडाऱ्यांनी वांटो घेतलो, अशे डॉ जयशंकर हांणी

सोशल मिडियाचेर पोस्ट केला. तशेंच, कृत्रिम बुद्धिमत्ता, अर्दवायू, निवळ उर्जा, संरक्षण अशा उदरगतशील क्षेत्रांनी, नव्यो संद सोदून काडपाचेर चर्चा जाली, अशेंय मंत्री जयशंकर हाणी सांगलें.

राष्ट्रपती नागालँड -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी, मणिपूरचे राज्यपाल अजय कुमार भल्ला हांची, तांच्या सध्याच्या कर्तव्या भायर, नागालँडच्या राज्यपालाची कामां हातात घेवपाखातीर नेमणूक केल्या. नागालँडाचे राज्यपाल ला. गणेसन हाच्या निधना उपरांत, राष्ट्रपती भवनान, भल्ला हांची, राज्यपाल म्हणून नेमणूक केल्या, अशें राष्ट्रपती भवनाच्या एका संदेशान सांगलां.

Putin –

रशियेचे राष्ट्रध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हाणी अमेरिकेंतल्या अलास्का हांगा राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचे कडेन केल्ली बसका वेळार आनी उपेगी अशी बसका अशें म्हणलां. बसकेंत उक्ती चर्चा जाल्ल्यान रशियेक निर्णय घेवपाक सोंपें जालां अशें तांणी काल मॉस्कोंतल्या मंत्रीमंडळ वांगड्यांक आनी हेर अधिकाऱ्यांक सांगलें. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांचे भशेन तांकांय युक्रेन झुज बेगीन सोंपपाची इत्सा आसा अशें पुतीन हांणी सांगलें. युक्रेन संकश्ट कशें सोडोवंक मेळटा हाची

म्हायती  ट्रम्प हांकां दिल्या अशें तांणी सांगलें. पुतीन हाणी द्विपक्षीय सहकार परतून हाडपाचें आवाहन करून  ट्रम्प हांकां रशियेंत आपयलें.

विक्रम मिसरी नेपाळ -

परराश्ट्र सचीव विक्रम मिसरी, नेपाळचे तांचे समकक्ष अमृत बहादुर राय हांच्या आमंत्रणावेल्यान, आयज सावन दोन दिसांच्या अधिकृत नेपाळ भेटेर वतले. परराश्ट्र मंत्रालयान (एमईए) सांगलें, कि भारत आनी नेपाळ हांचे मदीं घटमूट आनी इश्टागतिचे संबंद आसात. जाका लागून फाटल्या वर्सांनी सहकार्याच्या विंगड विंगड मळार उदरगत जाल्या.

Badminton- 60

सायपन आंतरराष्ट्रीय बॅडमिंटन सर्तींत भारताची तान्या हेमंत हाणें बायलांच्या एकोडे गटांत जैत मेळयलां. काल उत्तर मारियाना जुंव्यांचेर जाल्ले फायनलींत तान्यान जपानाच्या कानाए सकाईक हारयले. तान्याचें हें वर्साचें पयलें जाल्यार कारकिर्दींतलें चवथें आंतरराष्ट्रीय खिताब. हाचे आदीं तान्यान  2022 वर्सा इंडिया इंटरनॅशनल, 2023 वर्सा इराण फज्र इंटरनॅशनल आनी फाटल्या वर्सा बेंडिगो इंटरनॅशनल जिखल्ले.

तशेंच फाटल्या वर्सा आझरबैजान आंतरराष्ट्रीय सर्तींत ती उपविजेती आशिल्ली.

Squash –

आयज ऑस्ट्रेलियांत जावपी बेगा ओपन स्क्वासाचे फायनलींत भारताची अनाहत सिंग आनी इजिप्ताची  हबीबा हानी हांचे मदि खेळ जातलो. पयल्या क्रमांकाच्या अनाहत सिंगान इजिप्तांतल्या नूर खफागीक हारोवन फायनलींत पावल घाले. अनाहटान 18 सर्तींनी 12 पीएसए खिताब जिखल्यात.

आयएमडी हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज, मध्य महाराष्ट्र, कोंकण, गोंय आनी तेलंगणातल्या एकसुरे सुवातांनी पावसाचो, रेड अलर्ट जारी केला. फाल्यां दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, दक्षिण कर्नाटक, अस्तंत मध्य प्रदेश, आनी गुजरातांतल्या कांय वाठारांनी, व्हडा प्रमाणात पावसाची पडटलो. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत कर्नाटक, तेलंगणा, तमिळनाडू, केरळ, माहे, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, आनी यानम वाठारांत घोग्यांनी पावस पडटलो, असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. हवामान खात्यान दिल्ले

म्हायती प्रमाण, फुडल्या 2-3 दिसांत, दिल्ली-एनसीआरांत कमी प्रमाणात पावस पडपाची, शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत, सुमार 11 हजार कोटी रुपयांच्या, दोन व्हड राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण करतले.

- आयज नवी दिल्लींतल्या मुख्यालयांत, भाजपा संसदीय मंडळाची जातली बसका. उपराष्ट्रपती पदाच्या वेंचणुकेखातीर, उमेदवाराविशी चर्चा जावपाची शक्यताय.

- भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुभंशु शुक्ला, आयज सकाळी नवी दिल्लीत पावले. दिल्ली विमानतळार, तांचो भव्य येवकार.

- भारताच्या इलॅक्ट्रॉनिक्स निर्यातींत, चालू वित्तीय वर्साच्या पयल्या तिमाहींत, फाटल्या वित्तीय वर्साच्या ह्याच काळांपरस, 47 टक्क्यांनी वाड जाल्या.

- सायपन आंतरराष्ट्रीय बॅडमिंटन सर्तींत, भारताची तान्या हेमंत हिणें, बायलांच्या एकोडे गटांत जैत जोडले.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.  नमस्कार